4th February 2026 7.25am

विश्वजित रश्मि 100

फुडल्या 4-6 म्हयन्याभितर AI तंत्रगिन्याचो चडान चड भलायकी मळार उपेग करपाची मोख भलायकी खात्यान दवरला अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

गोंयात मार्च 2025 ते आतामेरेन 20 lung cancer positive केशी सापडल्यात ,जाल्यार आतामेरेन वेगवेगळ्या 17 भलायकी केंद्रानी तशेंच गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या हाॅस्पिटलात lung cancer च्या 1 लाख आठ हझार चारशे chavdyattr जणांची x ray screening केला.जाल्यार ह्या चाचणेवरवी lung cancer खातीर एक हझार सशेपन्नास दुबावीत गांठ मेळील्ले दुयेती आसा अशी म्हायती राणे हांणी दील्या.

जाल्यार 2027 मेरेन इस्त्रायलात तयार केलेल्या भलायकी विषयक उपकरणांचो वापर करून बांबोळे cancer hospital चालीक लागतले अशी म्हायती तांणी दिली.

दामू रश्मि /ganesh 70

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामन हांणी मांडील्लो अर्थसंकल्प हो अभ्यासपुर्व तयार केल्लो असो व्यवहारीक,देशाची प्रगती करपी,लोकाभिमुख,तशेंच विकसित भारताक दीशा दीवपी असो आधुनिक भारताचो roadmap आसा अशे मत भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी उक्तायला.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले. ह्या अर्थसंकल्पात केल्ल्या वेगवेगळ्या तरतुदींचो गोंयाक तरेकवार मळार फायदो जातलोच,पुण खास करून नाल्ल आनी काजु पिकावळ,blue economy खातीर केल्या अर्थिक तरतुदींचो फायदो गोंयाक चड जातलो अशे नायक हांणी म्हळा.

ह्यावेळार CA जयराम खोलकार हाजीर आशील्ले.
DIP – 90

गोंय पुलीस खात्यान आयोजीत केल्ली पुलीस महासंचालक आनी महानिरीक्षकांची राज्य पांवड्यावयली परिशद काल पणजेत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षते खाला जाली.

परिशदेत मुख्यमंत्र्यान दिवचल पुलीस स्टेशनाक 2025 वर्सा खातीर भारतातले उत्कृश्ट पुलीस स्टेशन म्हूण पाचवे स्थान फावो जाल्ले खातीर प्रशस्तीपत्र भेटोवन उत्कृश्ट कामगिरी आनी भौशीक सेवेतल्या वचनबद्धतेची दखल घेतली.
ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान पुलीस यंत्रणां मजबूत करपाच्या आनी तांत्रिक क्षमता वाडोवपाच्या उद्देशान दोन म्हत्त्वपूर्ण उपक्रमांचो शुभारंभ केलो. तातूंत सायबर अर्थिक फसवणूक प्रकरणां खातीर ई-झिरो एफआयआर मॉड्यूल आनी प्रिझम (प्रोॲक्टिव्ह रिस्क आयडेंटिफिकेशन अँड सर्व्हेलन्स मेकॅनिझम) - इंटेलिजेंट फ्यूजन सेंटर हांचो आस्पाव आसा.

Book fair – 110

पणजेंत ‘गोवा पुस्तक महोत्सव 2026’ नॅशनल बुक ट्रस्ट (एनबीटी), भारत सरकार, गोंय सरकार आनी समर्थ युवा फावंडेशन हांणी जोडपालवान आयोजीत केला. हो भव्य पुस्तक महोत्सव पणजेंतल्या भाउसाहेब दयानंद बांदोडकर मैदानांचेर आयज 4 ते 8 फेब्रुवारी मेरेन जातलो. ह्या महोत्सवाचें उक्तावण आज मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत करतले.ह्या वेळार कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर, आणि हेर मानेस्त हाजीर आसतले. ह्या महोत्सवाचीं खाशेलपणा म्हणलयार शंबरां परस चड प्रकाशकांचे 200 स्टॉल हांगा आसतले. इंग्लीश, कोंकणी, मराठी आनी हेर भारतीय भाशांतल्या पुस्तकांचो खजिनो वाचप्यांक मेळटलो.महोत्सवांतल्या सगळ्या पुस्तकांचेर 10 टक्के सूट दितले. सगळ्या नागरिकांक प्रवेश फुकट, आनी महोत्सवाचो वेळ सकाळीं 11 ते रातीं 8 मेरेन आसतलो. हे विशी उलयताना नॅशनल बुक ट्रस्टचे संचालक युवराज मलिक हांनी म्हणले की

Sports – 30

बायलां प्रिमियर लीग (डब्ल्यूपीएल) क्रिकेट सर्तींत काल रातीं वडोदरात बीसीए स्टेडियमाचेर जाल्ल्या एलिमिनेटर मॅचीत दिल्ली कॅपिटल्सान गुजरात जायंटसॅक सात विकेटींनी हारयला. फाल्यां फायनलीचे मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्स रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड खेळटले.